Akashvani Panaji National Bulletin 30 April 2025, 8.40 am

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या अध्यक्षतेखाला काल नवी दिल्लींतल्या आपल्या निवासस्थानार संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग, आनी राष्ट्रीय सुरक्षा सल्लागार अजीत डोवाल हांचे कडेन बसका जाली. सीडीएस अनिल चौहान आनी तीन सेवांचे मुखेलीय हे बसकेक हाजीर आशिल्ले. पहलगाम आतंकवादी हल्ल्या उपरांत ही बसका जाली. आरएसएसचे मुखेली मोहन भागवत हांणीय नवी दिल्लींतल्या आपल्या निवास्थानीर प्रधानमंत्रीक मेळ्ळे.

---

सर्वोच्च न्यायालयाचे न्यायाधीश, न्यायमूर्ती भूषण रामकृष्ण गवाय हे भारताचे फुडले मुखेल न्यायाधीश आसतले. केंद्रीय कायदो आनी न्याय मंत्री अर्जुन राम मेघवाल हांणी सांगलें कि , राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी न्यायमूर्ती गवाय हे भारताचे फुडले मुखेल न्यायाधीश म्हणून नेमणूक केल्या आनी तांची नेमणूक 14 मे सावन लागू जातली. न्यायमूर्ती गवाय हे बावनावे मुखेल न्यायाधीश आसतले. फुडल्या म्हयन्याचे 13 तारखेक न्यायाधीश संजीव खन्ना हांचो कार्यकाळ सोंपल्या उपरांत ते पद साम्भाळटले .

---

उत्तरकाशी जिल्ह्यांतल्या गंगोत्री आनी यमुनोत्री धामाचे पोर्टल उगडून आयज उत्तराखंडांत चार धाम यात्रा सुरू जातली. स म्हयने मुकबा गांवांत शिंयाळ्यांत रावल्या उपरांत काल गंगा देवीच्या पालकीक गंगोत्री धामात हाडलें . तीर्थ पुरोहित राजेश सेमवाल हांणी सांगलें कि , आयज भैरवघटी सावन गंगोत्री मेरेन पालकी प्रवास जातलो, थंय सकाळीं 10:30 वरांचेर पारंपारीक प्रार्थना आनी वैदिक मंत्रांनी देवळाचीं दारां उक्तीं जातलीं. दुसरे वटेन माँ यमुनाची पालकी आयज सकाळीं खरसाळींतल्या आपल्या गिमाच्या निवासस्थाना वयल्यान यमुनोत्री धामाक वचपाक भायर सरतली आनी थंय सकाळीं 11:55 वरांचेर भक्तां खातीर देवळाचीं दारां उक्तीं जातलीं. शुक्रारा केदारनाथ धामाचे पोर्टल उगडटले, जाल्यार आयतारा बद्रीनाथ धामाचे गेट उगडटले. आकाशवाणी चार धाम यात्रा 2025 साच्या उक्तावणाचेथेट

प्रसारण करतले. गंगोत्री धामाचे पोर्टल उगडपाचें थेट प्रसारण आयज सकाळीं 10 ते 11 मेरेन, जाल्यार यमोंत्री धामाचे पोर्टल उगडपाचें थेट प्रसारण सकाळीं 11:30 ते 12:30 मेरेन आसतले .

---

दरवाडी विशीं भारता कडेन उलोवणी बरी चलता आनी दोनूय देश बेगीन वेपार करार करतले अशें अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी सांगलां. अमेरिकेच्या राष्ट्राध्यक्षांनी काल रातीं व्हाइट हाऊसा भायर मिशिगनांत जावपी रॅली आदी पत्रकारांक ही म्हायती दिली. ह्या सप्तकाचे सुरवेक अमेरिकेचे खजिना सचीव स्कॉट बेसेंट हांणीय भरात हो अमेरिके कडेन वेपारी करार करपी पयल्या देशांतलो एक आसूं येता अशें पुष्टी केल्लें. फेब्रुवारींत भारत आनी अमेरिकेन वेपार कराराच्या पयल्या पांवड्यार काम सुरू करपाचें मान्य केलें आनी ह्या वर्साच्या निमाणे मेरेन कबलात करपाचो आनी 2030 मेरेन द्विपक्षीय वेपार 500 अब्ज डॉलर मेरेन वाडोवपाचो हेतू आशिल्लो. डोनाल्ड ट्रम्प हांणी भारताचेर 26 टक्के परस्पर शुल्क लायिल्लो, आनी उपरांत जायत्या देशां कडेन वेपारी करारांचेर चर्चा करपा खातीर शुल्काचेर 90 दिसांचो विराम जाहीर केल्लो.

---

मदर डेरीन आपल्या द्रव दुदाचें दर लिटराक दोन रुपया मेरेन वाडयलां आनी आयज सकाळीं सावन सुदारीत दर लागू जातले. कंपनीन जारी केल्ल्या निवेदना प्रमाण फाटल्या कांय म्हयन्यांत दर लिटराक 4 ते 5 रुपया वाडिल्ल्या खरेदी खर्चांत वाड जाल्ल्यान दर वाडोवप गरजेचें आशिल्लें. खरेदी दरांत जाल्ली वाड चड करून उमाशेची सुरवात आनी प्रचलित उश्णताय ल्हारांचो परिस्थितीक लागून जाल्या अशें कंपनीन सांगलां.

---

काल रातीं जम्मू-काश्मीरांत नियंत्रण रेशेचेर पाकिस्तान लश्करान केल्ल्या गोळीबाराक भारतीय लश्करान प्रभावी जाप दिली. संरक्षण सुत्रांनी सांगलें कि , पाकिस्तान लश्करी चौक्यांनी नौशेरा, सुंदरबनी आनी अखनूर क्षेत्रा समोर आशिल्ल्या वाठारांनी नियंत्रण रेशेचेर गोळीबार केलो. भारतीय सैन्यान प्रभावीपणान प्रतिसाद दिलो.

---

युएईचे उपप्रधानमंत्री आनी विदेश वेव्हार  मंत्री शेख अब्दुल्ला बिन जायद अल नहयान हांचे कडेन केलेल्या संवादा बद्‌दल  विदेश वेव्हार  मंत्री  dr s जयशंकर हांणी सांगले . सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत dr s जयशंकर हांणी सांगलें कि , आतंकवादाक सगळ्या प्रकारांनी  प्रभावीपणान आडावपाची गरज आसा हाचेर तांणी चर्चा केल्या.

---

भारतांतले इजिप्ताचे राजदूत कमेल जायद गलाल हांणी फाटल्या सप्तकांत पहलगामांत जाल्ल्या आतंकवादी  हल्ल्याचो  इजिप्तान  खर निशेध केला. आतंकवादी संघटने  कडेन सोद घेवपा  खातीर संवसारीक सहकार्याचेर राजदूतान भर दिलो. ह्या आव्हानांनी  राजकी, सुरक्षा, समाजीक आनी अर्थीक घटक हाताळपा खातीर एक समग्र पद्‌दत जाय अशें तांणी सांगलें. भारता कडेन एकचार उक्तायतना राजदूतानी ह्या कठीण काळांत  इजिप्त सदांच भारता फाटल्यान  खंबीरपणान उबो रावपाचे आश्वासन तांणी दिलें .

---

अस्तंत बंगालांत काल रातीं मध्य कोलकाता हांगाच्या फालपट्टी माछुआ लागसारच्या हॉटेलांत उजो लागलो आनी उण्यांत उणे 14 जाणांक मरण आयलें. पुलिसांनी सांगलें, 14 जनक मरण आयला  आनी जायत्या जाणांक सोडयल्यात. सुमार 8:15 वरांचेर उज्याची घडणूक घडली. उज्याचें कारण अजून कळूंक ना. तशेंच हे घडणुकेची चवकशी करपा खातीर खाशेलो पंगड तयार केला अशें कोलकाता पुलीस आयुक्त मनोज कुमार वर्मा हांणी सांगलें. हाचे आदीं केंद्रीय मंत्री आनी अस्तंत बंगाल भाजपाचे अध्यक्ष सुकांत मजुमदार हांणी राज्य प्रशासनाक पिडेस्तांक बेगोबेग सोडवपाचो उलो मारला, आनी फुडाराक अशो दुख्खद घडणुको जावचे न्हय हे खातीर उजो पालोवपाच्या उपायांचेर ‘खर निरिक्षण’ करपाचो उलो मारला.

---

पहलगाम आतंकवादी हल्ल्यांत मरण आयिल्ल्याचा  कुटुंबांक 50 लाख रुपया अर्थीक मजत दिवपाची घोशणा महाराष्ट्राचे मुखेलमंत्री देवेंद्र फडणवीस हांणी केल्या. मुंबयंत जाल्ले मंत्रीमंडळ बसकेंत सरकारान  मरण आयिल्ल्याचा  कुटुंबांक शिक्षणीक आनी नोकरी आदार दिवपाचेय  आश्वासन दिला , तातूंत हल्ल्यांत मरण आयिल्ल्या संतोष जगदले हांची धूव असवारी जगदले हिका सरकारी नोकरी

दिवपाचे आश्वासन दिला . मजगती महाराष्ट्र सरकारान राज्यांतल्या भिकारांच्या घरांनी दवरिल्ल्या निराधार व्यक्तींक दिवपी अर्थीक  भरपाय सुदारल्या. सुमार अर्द्या शेंकड्यांत पयलेच खेपे हो निर्णय घेतला.

---

फाल्यां मुंबयच्या जियो वर्ल्ड कन्व्हेंशन सेंटरांत पयलें संवसारीक  ऑडियो व्हिज्युअल मानरीजवण शिखर परिषद  (WAVES) 2025 सुरू जातलें. 4 दिसांच्या ह्या कार्यावळींतल्यान ऑडियो-व्हिज्युअल आनी मनरिजवण उद्देगाच्या फुडारा विशीं चर्चा करपाक जागतीक माची स्थापन जातली .  ह्या कार्यावळींत जागतीक माध्यम संवाद, खरेदीदार-विक्रेतो मेळप, निर्मात्यां खातीर  सत्रां आनी नव्या युगाच्या कथा सांगपाच्या स्वरूपांचे प्रदर्शन आसतले.मनरिजवण आनी सृजनशीलतेंतल्या भारताची व्हड क्षमता संवसाराक दाखोवपाची वेव्स शिखर सभेंत एक उल्लेखनीय संद दिता . फाल्यां सावन सुरू जावपी चार दिसांच्या कार्यावळींत संवसारांतले मुखेल मिडिया सीईओ, मुखेल मनरिजवणेचे आयकॉन आनी संवसारभरांतले सृजनशील लोक एकठांय येतले. शंबर देशांतले सुमार पांच हजार प्रतिनिधी ह्या शिखर सभेंत हाजीर रावपाचे आसात. मनरिजवण स्टार्टअपांक आपलीं कल्पना जागतीक प्रेक्षकां मुखार मांडपाची संद मेळटली आनी गुंतवणूकदार आनी उद्देग फुडाऱ्यां कडेन जोडपाची संद मेळटली.अमिताभ बच्चन, रजनीकांत, चिरंजीवी, मोहनलाल, नागार्जुन, शाहरुख  खान, अनिल  कपूर, अक्षय  कुमार, आमिर  खान सारकिले नामनेचे व्यक्ती ह्या कार्यावळीक हाजीर रावपाचे आसात.

---

इस्लामाबादाक खर शिटकावणी दितना साउदी अरेबियाच्या आंतराश्ट्रीय मंत्रालयान अंदू हज परवान्याच्या नेमाचें उल्लंघन करपी पाकिस्तानी नागरिकांक खर ख्यास्त दितले अशें सांगलां. साउदी मंत्रालयाच्या  शिटकावणींत फुडें सांगलां की 10 जून 2025 मेरेन दंड लागू जातलो.

---

भारतीय  हवामान खात्यान आयज ओडिशा, आसाम आनी मेघालयात  एकसुऱ्या सुवातीनी  पावस पडपाचो अदमास उक्तायला . फुडल्या 2 ते 3 दिसांत दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, उत्तराखंड, उत्तर  प्रदेश, झारखंड, ओडिशा, तेलंगणा, उत्तर  कर्नाटक,

विदर्भा, छत्तीसगढ़, अस्तंत बंगाल, आनी सिक्किम ह्या कांय सुवातींनी गडगड आनी वादळी वारें येवपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

---